# ईडीसी न सरकाराक लाभांश रक्कमेचो धनादेश भेटयलो

ता. ६ जुलय 2021

राज्य सरकाराची स्वयंपुर्ण गोंय मोहिम यशस्वी करपा खातीर सरकारी खात्यांवांगडाच ईडीसी सारख्या म्हामंडळाकडल्यान बरो प्रतिसाद आनी सहकार्य मेळटा. सरकाराच्यो विंगड विंगड येवजणों लोकांमेरेन पावोवन लोकांक तांचो फायदो मेळोवन दिवपाक म्हामंडळाचो सक्रीय सहभाग आसता, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

मुख्यमंत्री आयज हांगा अर्थिक उदरगत म्हामंडळान सरकाराक लाभांश रक्कमेचो चेक भेटोवपाखातीर आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमात उलयताले. ईडीसीन गोंय सरकाराक रू. १००.९२ लाख लाभांश जाहिर केला. ईडीसीचे अध्यक्ष श्री. सदानंद तानावडे हांणी रू. ८६.२० लाख रक्कमेचो धनादेश २०१९-२० अर्थिक वर्साचो लाभांश म्हुण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे कडेन सुपुर्द केलो.

स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेखाला लोकांक आत्मनिर्भर करपा खातीर आपरोजगार सुरू करपाक मदत करपात येता. लोकांक येवजणांचो फायदो घेवपात मार्गदर्शन आनी सहकार्य करपाखातीर सरकारान स्वयंपुर्ण मित्रांची नेमणूक केल्ली आसा. हे स्वयंपुर्ण मित्र ग्रामपंचायतींनी भेट दिवन लोकांक येवजणांची म्हायती दितात आनी तांचो फायदो घेवपाबाबतीत मार्गदर्शन करतात, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

लाभांशाचो धनादेश भेटोवपाच्या कार्यावळीक वित्त सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल, म्हामंडळाचे संचालक संदीप भांडारे, पुरूषोत्तम राया पेडणेकर, वेवस्थापकीय संचालक के. व्ही. बाळ्ळीकर आनी ईडीसीचे हेर अधिकारी हजर आशिल्लें.

ईडीसीचे अध्यक्ष श्री. सदानंद तानावडे हांणी म्हामंडळाच्या विंगड विंगड येवजणांची आनी कार्याची म्हायती दिली.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/5

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji